

महाकवी कालिदासाचें

।। मेघदूत ।।

अणकारः

शांताराम वर्दे वालावलीकार

4459
Devo->Dev
SHA

004459
S

कवी कुलगुरू महाकवी कालिदासाचें

॥ मेघदूत ॥

अणकारः

शांताराम वर्दे वालावलीकार

शांताई प्रकाशन

WORLD KONKANI ... LIBRARY MANGALORE

महाकवी कालिदासाचें

मेघदूत

कोंकणी अणकारः

शांताराम वर्दे वालावलीकार

MEGHDUT

of **Mahakavi Kalidas**

Konkani Translation :

Shantaram Warde Walawalikar

© सौ. शांता वर्दे वालावलीकार

उजवाडावणीः

डिसेंबर, 2014

उजवाडावपीः

शांताई प्रकाशन, गोंय

अक्षर जुळवणीः

शांताराम वर्दे वालावलीकार

सुशांत नायक

छापणावळः

उगम स्क्रीन, पयरा गोंय

मुखचित्रः

शांताराम वर्दे वालावलीकार

मोल रु. 100

4459
Dev0 -> Dev
SHA

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी ग्रंथालय
MANGALORE

साठ वर्सां फाटीं हांवें बरयिल्ले पयलेच कोंकणी काणयेची
मुंबयतली चाळभर आनी येतल्या वतल्या कडे तोंड भरून तुस्त करपी

कै. श्री. गोविंद विष्णू करंडे उर्फ दादा

हांच्या पवित्र उगडासाक

दोन उतरां

महाकवी कालिदासाचें 'मेघदूत' हें संवसारांतलें एक श्रेश्ठ अशें काव्य. जायत्या भासांनी ताचे अणकार तर जाल्यातूच पूण एकेच भाशेंत लेगीत एका परस चड अणकार जाल्यात. भारतीय भासां भायर इंग्लेज, फ्रेंच, जर्मन, स्पॅनीश, रशियन, उजबेकी बी जायत्या भासांनी ताचो अणकार जाला. देखून संवसारांत मेघदूताचो वाचपी वर्ग आनी रसीक वर्ग खूब व्हडलो आसा.

कोण एक यक्ष आपले घरकान्नी पसून खूब काळ मेरेन पयस उरता. तो विरहान झुरता. आपली घरकान्न अशीच दुखी कश्टी जाल्या आसतली अशें येवजून तो यक्ष आपलें कुशल तिका कळोवपाक एका मेघा वरवीं संदेश धाडटा. तो धाडपा खातीर तो मेघाक रामगिरीसून अलकानगरीक वचपाची वाट सांगता. थंयच्या आपल्या घराची वळख सांगता आनी संदेशाचो मजकूर सांगता. सगळ्या मेघदूताचें हें सार. हातूंत खंयच्याच पात्राचें नांव ना. तशें पळेल्यार कथानकूय व्हडलेंशें ना. पूण तांतलें बारीकसाणीन केल्लें वर्णन हें मन भुलयणें. तातूंत प्रणय आयलो, शृंगार आयलो, विंगड विंगड पर्वत आयले, वेगळ्यो वेगळ्यो न्हंयो आयल्यो, नाना त्या तरांचीं फुलां, फळां, वनस्पत, प्राणी, सवणीं ह्या सगळ्यांनी आपल्यो आपल्यो फावशो सुवाती हांगा राखून दवरल्यात. हें वर्णन मुळांतूच वाचूंक जाय.

मूळ मेघदूत मंदाक्रांता वृत्तांत बरयलां. पूण हांवें अणकार करतना म्हजेर वृत्ताचें बंधन घालून घेवंक ना. पूण तें समश्लोकी मात दवरलां. कोंकणी भाशेची घडण आनी धाटणी पळेल्यार तें म्हजे सारकिल्या कडल्यान मंदाक्रांता वृत्तांत बरोवंक जायत अशें म्हाका दिसलें ना. तसोच व्हड प्रतिभावंत कोंकणी कडेन प्रामाणीक रावून तें करूंक धजत. बाकीबाबान मंदाक्रांता वृत्तांत मेघदूत मराठींत हाडलां आनी विद्वानांच्या मता प्रमाण तें खुबूच बरें उतरलां. तशे मराठींत पंचवीस एक अणकार आयल्यात. पूण जायत्या जाणांक मंदाक्रांता पेलूंक ना.

ह्या पुस्तकाक जांचो हातभार लागला तातूंत अक्षर जुळवणेक म्हाका आदार करपी बाब सुशांत नायक आनी छापणावळी खातीर उगम स्क्रीनचे धनी बाब सुदेश शेट्ये हांचे उपकार मानुंकूच जाय.

- शांताराम वर्दे वालावलीकार

खंड १ - पूर्वमेघ

WORLD KONKANI LIBARY
Accn No:004459

॥१॥

कश्चित्कान्ताविरहगुरुणा स्वाधिकारात्प्रमत्त:
शापेनास्तङ्गमितमहिमा वर्षभोग्येण भर्तु:।
यक्षश्चक्रे जनकतनयास्नानपुण्योदकेषु
स्निग्धच्छायातरुषु वसतिं रामगिर्याश्रमेषु॥

कुबेरस्वामिचो यक्ष एकलो एकदां वावरांत चुकलो
ख्यास्त म्हणून तो वरसा खातीर घरसंसाराक मुकलो
जंयच्या उदकाक पुण्याय लाबली जनकधुवेच्या न्हाणाक लागून
कुपांदाट त्या रामगिरीचेर आसरो घेतलो आश्रम भोंवून

॥२॥

तस्मिन्नद्रौ कतिचिदबलाविप्रयुक्तः स कामी
नीत्वा मासान्कनकवलयभ्रंशरिक्तप्रकोष्ठः।
आषाढस्य प्रथमदिवसे मेघमाश्लिष्टसानुं
वप्रक्रीडापरिणतगजप्रेक्षणीयं ददर्श ॥

म्हयने सरलें त्याच गिरीचेर, कितल्यो सोंसल्यो विरह यातना
भागून जाल्यो बडयो हातांच्यो, गळून पडलीं भांगरा कांकणां
आशाढाच्या दिसाक पयल्या, तेमकेर दिसलो ढग ओणवेल्लो
मातये राशीक धोंगसूंक सज्जसो, एक मस्त तो हतीसो दिसलो

॥३॥

तस्य स्थित्वा कथमपि पुरः कौतुकाधानहेतो-
रन्तर्बाष्पश्चिरमनुचरो राजराजस्य दध्यौ।
मेघालोके भवति सुखिनोऽप्यन्यथावृत्ति चेतः
कण्ठाश्लेषप्रणयिनि जने किं पुनर्दूरसंस्थे ॥

हड्ड्यांतलें दुख कश्टान आवरून यक्ष पळेतूच उरलो
दुकां दोळ्यांतलीं व्हांवत आसतना ढगाक तेळीत रावलो
मेघदर्शनान हुरहूर लागता, प्रिया जांगेल्या म्हन्यान तांकांय
गळ्याक विळखो घालूंक वान्सुपी विरही जनांची हीच आवतीकाय

||४||

प्रत्यासन्ने नभसि दयिताजीवितालम्बनार्थी
जीमूतेन स्वकुशलमयीं हारयिष्यन्प्रवृत्तिम् ।
स प्रत्यग्रैः कुतजकुसुमैः कल्पितार्घाय तस्मै
प्रीतः प्रीतिप्रमुखवचनं स्वागतं व्याजहार ॥

तेंकला श्रावण सामको लागीं, प्रिया आपणाली सुखरूप आसची
मेघाकडल्यान निरोप धाडचो, इत्सा यक्षाची कुशल कळोवंची
फुलां कुड्याचीं ओंपून यक्षान त्या मेघाची पूजा केली
प्रसन्न आनी गोड उलोवण्यान येवकाराची नांदी जाली

॥८॥

धूमज्योतिः सलिलमरुतां संनिपातः क्व मेघः
संदेशार्थाः क्व पटुकरणैः प्राणिभिः प्रापणीयाः।
इत्यौत्सुक्यादपरिगणयन्गुह्यकस्तं ययाचे
कामार्ता हि प्रकृतिकृपणाश्चेतनाचेतनेषु ॥

हो ढग निर्जीव उजो, धुंवर आनी वाया उदकाचो
सजीव मनशा वरी कसो तो निरोप घेवन वचचो
प्रणयार्ताक पुण विवेक खंयचो सजीव निर्जीवाचो
आगरो करता मेघाकूच तो संदेश व्हरपाचो

॥ ६॥

जातं वंशे भुवनविदिते पुष्करावर्तकानां
जानामि त्वां प्रकृतिपुरुषं कामरूपं मघोनः ।
तेनार्थित्वं त्वयि विधिवशाद्दूरबन्धुर्गतोऽहं
याञ्चा मोघा वरमधिगुणे नाधमे लब्धकामा ॥

प्रसिद्ध पुश्करावर्तक वंशांत मेघा तूं गा जल्म घेशी
इंद्राचो तूं मुखेल सेवक, रुपां बदलशी जाय तशीं
ताटातूट आज म्हजे प्रियेची म्हणून तुजी हांव करतां विनवणी
उपकार घेवचे दुर्जनांचे त्यापरस बरी गुणीजन-मनधरणी

॥७॥

संतप्तानां त्वमसि शरणं तत् पयोद प्रियायाः
संदेशं मे हर धनपतिक्रोधविश्लेषितस्य।
गन्तव्या ते वसतिरलका नाम यक्षेश्वराणां
बाह्योद्यानस्थितहरशिरश्चन्द्रिकाधौतहर्म्या ॥

हुनेल्ल्या जिवांक तूंच न्हिवयता, देखून मेघा तुका विनयतां
धनपती-स्त्रापान विरह सोंसपी हांव, निरोप पावय सखीक आतां
शिवमाथ्याच्या चंद्रकलेच्या चान्न्यान भवनां पिठूर जंयसर
यक्षांची प्रिय अलकानगरी, तुका वचूंक जाय मेघा थंयसर

॥८॥

त्वामारूढं पवनपदवीमुद्गृहीतालकान्ताः
प्रेक्षिष्यन्ते पथिकवनिताः प्रत्ययादाश्वसन्त्यः।
कः संनद्धे विरहविधुरां त्वय्युपेक्षेत जायां
न स्यादन्योऽप्यहमिव जनो यः पराधीनवृत्तिः ॥

वाऱ्या वांगडा तूं व्हांवत वतना, कुल्लां आपलीं फाटल्यान सारून
वाटसुरांच्यो बायलो विश्वासान तुका पळेतल्यो खोशी भरभरून
खातरी तांकां तुज्या दर्शनान प्रियतम परतो घराक येतलो
पराधीन हांव, म्हजे सारकिलो हेर कोण गा दुखी आसतलो?

||९||

तां चावश्यं दिवसगणनातत्परामेकपत्नी-
मव्यापन्नामविहतगतिर्द्रक्ष्यसि भ्रातृजायाम् ।
आशाबन्धः कुसुमसदृशं प्रायशो ह्यङ्गनानां
सद्यःपाति प्रणयि हृदयं विप्रयोगे रूणद्धि ॥

थांबनासतना तूं असोच वतना, ढगा तुगेली भावजय दिसतली
आयलो ऽ दीस मेजीत काळ ती शिणली आनी भागली आसतली
बायलां काळजां मोगान थपथपीत तशेंच फुलावरी कोमल आसता
फकत आस्तीचो धागो तांकां वियोग काळांत सांवरून घेता

||१०||

मन्दं मन्दं नुदति पवनश्चानुकूलो यथा त्वां
वामश्चायं नदति मधुरं चातकस्ते सगन्धः।
गर्भाधानक्षणपरिचयान्नूनमाबद्ध मालाः
सेविष्यन्ते नयनसुभगं खे भवन्तं बलाकाः ||

वारो जेन्ना आपल्या सांगाता तुका ल्हवूल्हवू व्हरीत रावतलो
जीवजिवाचो चातक तुगेलो दावे वटेंतल्यान गायत भोंवतलो
गर्भाधाना खीण येवजीतूच बगळ्यां माळो मळबांत जुळटल्यो
नदर सुखावपी तुजें रूप चोवन सेवेक तुगेले हाजीर रावतल्यो

॥११॥

कर्तुं यच्च प्रभवति महिमुच्छिलीन्ध्रामवन्ध्यां
तच्छ्रुत्वा ते श्रवणसुभगं गर्जितं मानसोत्काः।
आकैलासाद्बिसकिसलयच्छेदपाथेयवन्तः
संपत्स्यन्ते नभसि भवतो राजहंसाः सहायाः ॥

कानभुलयण्यो तुज्यो गर्जना आयकून काळजांत जावपी खोशी
धर्तरेच्या कुसव्यांत फळिल्ले आंकूर दिसतले तुका चोंयवशीं
त्या उत्साहान राजहंस तर मानससरोवराक वचूंक रावतले
शिदोरेक घेवन साळका देंठ ते तुज्या सांगाता खोश्येन येतले

||१२||

आपृच्छस्व प्रियसखममुं तुङ्गमालिङ्ग्य शैलं
वन्द्यैः पुंसां रघुपतिपदैरङ्कितं मेखलासु।
काले काले भवति भवतो यस्य संयोगमेत्य
स्नेहव्यक्तिश्चिरविरहजं मुञ्चतो बाष्पमुष्णम् ||

श्रीरामाचीं वंद्य पावलां जंयच्या फातरार उटावन उरलीं
त्याच उंचेल्या पर्वताचो तूं निरोप घे रे सगल्यांत पयलीं
लांबशा विरहा उपरांत जेन्ना इश्टाभेटेचो प्रसंग घडटा
भावकेचे भाव परगट्टांना दुकां हुनहुनीत आपशींच पडटा

||१३||

मार्गं तावच्छृणु कथयतस्त्वत्प्रयाणानुरूपं
संदेशं मे तदनु जलद श्रोष्यसि श्रोत्रपेयम्।
खिन्नः खिन्नः शिखरिषु पदं न्यस्य गन्तासि यत्र
क्षीणः क्षीणः परिलघु पयः स्रोतसां चोपभुज्य ||

परस्तनाची वाट समजायतां, एकाग्र चित्तान तुवें आयकूंची
संदेश मागीर सांगतां, आयकून तुज्या कानांची तान न्हिवोवंची
भोंवतां भोंवतां जीव शिणलो तर तुवें तेमकांचेर पांय तेकोंवचे
आनी शिणभागा खातीर थंयच्या नितळ वझऱ्यांचें उदक पियेवंचें

||१४||

अद्रेः शृङ्गं हरति पवनः किंस्विदित्युन्मुखिभि-
र्दृष्टोत्साहश्चकितचकितं मुग्धसिद्धाङ्गनाभिः ।
स्थानादस्मात्सरसनिचुलादुत्पतोदङ्मुखः खं
दिङ्नागानां पथि परिहरन्स्थुलहस्तावलेपान् ॥

भोळ्यो सिद्धांगना अजापीत, मळबा हेवटेन नदरो लायतल्यो
'वारो आतां नेटान व्हांवतना तेंगशीच कापून व्हरता?' धरतल्यो
वेतांच्या ह्या कुळागरांतल्यान सडसडीत तूं भायर सरून चल
दिका हतयांचो आघात वाटावपाक उत्तरेकडे तूं मुखार चल

||१५||

रत्नच्छायाव्यतिकर इव प्रेक्ष्यमेतत् पुरस्ताद्
वल्मीकाग्रात्प्रभवति धनुःखण्डमाखण्डलस्य।
येन श्यामं वपुरतितरां कान्तिमापत्स्यते ते
बर्हेणेव स्फुरितरूचिना गोपवेषस्य विष्णोः ||

रोयणी वेल्यान मुखार फांकलां इंद्रधोणू खंडीत
रत्नकिर्णांचें तेज तागेलें झगझगीत रंगीत
काळेसांवळे कुडीक तुगेले त्या तेजाची मारता कांत
दिसता कृष्णान खोयला माथ्यांत मोरापांख गो-राखण्या भेसांत

||१६||

त्वय्यायत्तं कृषिफलमिति भ्रूविलासानभिज्ञैः
प्रीतिस्निग्धैर्जनपदवधूलोचनैः पीयमानः।
सद्यःसीरोत्कषणसुरभिक्षेत्रमारुह्य मालं
किंचित्पश्चाद्व्रज लघुगतिर्भूय एवोत्तरेण ॥

पिकापाणयाचो तूंच आदार हें वळखून आसात बायलो सगल्यो
देखून कवतुकान, तुज्या आगमनान नदरो तांच्यो तुजेर लागल्यो
निकते जाल्ले नांगरणेचो परमळ भरला माळार चोंयकडे
थंयच्यान नेटान वचचें उत्तरेक वळून मात्सो पश्चिमेकडे

॥१७॥

त्वामासारप्रशमितवनोपप्लवं साधु मूर्ध्ना
वक्ष्यत्यध्वश्रमपरिगतं सानुमानाम्रकूटः।
न क्षुद्रोऽपि प्रथमसुकृतापेक्षया संश्रयाय
प्राप्ते मित्रे भवति विमुखः किं पुनर्यस्तथोच्चैः ॥

उटंगारांनी वणवे पालोवंचे, आम्रकूट तुजे उपकार आठयतलो
आपल्या माथ्यार दिवन आसरो, प्रवासा शिणभाग उणो करतलो
फाटल्या उपकारांक सुद्र मनाचे लोक लेगीत ना केन्ना विसरचे
उच्च, सुसंस्कृत मुळांत तांचे व्हडविकाये गुण कितले गावंचे

||१८||

छन्नोपान्तः परिणतफलद्योतिभिः काननाम्रै-
स्त्वय्यारूढे शिखरमचलः स्निग्धवेणीसवर्णे।
नूनं यास्यत्यमरमिथुनप्रेक्षणीयामवस्थां
मध्ये श्यामः स्तन इव भुवः शेषविस्तारपाण्डुः ||

पिक्या हळडुव्या आंब्या फळांच्यो गच्च भरिल्ल्यो तेमकार बागो
काळी तुकतुकीत विणी जावन तूं जेन्ना घेतलो मदलो जागो
गोरे पृथ्वीच्या हडव्या थानाचेर चींव दिसतलो, काळीसांवळी
चोवन अशें हें लोभस दर्शन जोडपीं देवांचीं सुखावन वतलीं

॥१९॥

स्थित्वा तस्मिन्वनचरवधूभुक्तकुञ्जे मुहूर्तं
तोयोत्सर्गद्रुततरगतिस्तत्परं वर्त्म तीर्णः।
रेवां द्रक्ष्यस्युपलविषमे विन्ध्यपादे विशीर्णां
भक्तिच्छेदैरिव विरचितां भूतिमङ्गे गजस्य ॥

विसव खिणभराक घेवचो तुवें जंय मुक्तपणान भोंविल्ल्यो भिल्लीणी
मागीर वचचें नेटान मुखार पुण आदीं भिजोवंचो वाठार सरींनीं
खडपां फोडीत व्हांवपी नर्मदा विंध्य पर्वता तळाक दिसतली
काळ्या हतयांच्या आंगार काडिल्ली धवी फुल्लशी नक्षी भासतली

॥२०॥

तस्यास्तिक्तैर्वनगजमदैर्वासितं वान्तवृष्टिः
जम्बूकुञ्जप्रतिहतरयं तोयमादाय गच्छेः।
अन्तःसारं घन तुलयितुं नानिलः शक्ष्यति त्वां
रिक्तः सर्वो भवति हि लघुः पूर्णता गौरवाय ॥

शिंवर करून पावसाचो जेन्ना दिसतलें तुका रितें रितें
रानहतयांच्या मदान गंधीत आनी जांबळींनीं थांबत व्हांवता तें
उदक न्हयेचें पियेवन घेतल्यार वारो तुगेले वाटेक वचचो ना
भरिल्ल्याचो भोवमान सदां मात रित्याकडे कोण ध्यान दिना

॥२१॥

नीपं दृष्ट्वा हरितकपिशं केसरैरर्धरूढै-
राविर्भूतप्रथममुकुलाः कन्दलीश्चानुकच्छम् ।
दग्धारण्येष्वधिकसुरभिं गन्धमाघ्राय चोर्व्याः
सारङ्गास्ते नवजलमुचः सूचयिष्यन्ति मार्गम् ॥

पांचव्या पिंगश्या नीम फुलांचेर भोंवती भोंवर केंसर सोदीत
रानकेळींचेर फुलून आयिल्यो कळयो, हरणां रावल्यां चाबडीत
नव्या रुजिल्ल्या गंधीत भाज्ज्यांक मस्ते हत्ती हुंगीत चलले
पावसा शिंवराचेर कळप हरणांचे मुखार तुगेलो मार्ग सुचयतले

॥२२॥

उत्पश्यामि द्रुतमपि सखे मत्प्रियार्थं यियासोः
कालक्षेपं ककुभसुरभौ पर्वते पर्वते ते।
शुक्लापाङ्गैः सजलनयनैः स्वागतीकृत्य केकाः
प्रत्युद्यातः कथमपि भवान्गन्तुमाशु व्यवस्येत् ॥

म्हज्या कार्याचे सिद्धी खातीर नेटान इश्टा तूं मुखार सरशी
तरीय फुलांनीं नटल्या पर्वतांर तूं असोच गा गणायत रावशी
दुकां खोश्येचीं गाळीत जेन्ना मोर येवकाराक केका गायतले
तेन्ना जांव तें मोट्या कश्टान पावल तुगेलें मुखार पडटलें

॥२३॥

पान्डुच्छायोपवनवृतयः केतकैः सूचिभिन्नै -
र्नीडारम्भैर्गृहबलिभुजामाकुलग्रामचैत्याः ।
त्वय्यासन्ने परिणतफलश्यामजम्बूवनान्ताः
संपत्स्यन्ते कतिपयदिनस्थायिहंसा दशार्णाः ॥

धवे हळडुवे हाते फुलले जंय पोरसा पोरसांत देगे देगेचेर
घोंटेर बांदती कावळे थंयच्या दाट मातिल्ल्या पांचव्या रुखांचेर
दशार्ण देशा लागसार पावल्यार जांबळीं रस्ती तुका दिसतल्यो
मात्सो घेवचो विसव थारावन हें, राजहंसांच्यो माळो थांबतल्यो

||२४||

तेषां दिक्षु प्रथितविदिशालक्षणां राजधानीं
गत्वा सद्यः फलमविकलं कामुकत्वस्य लब्धा।
तीरोपान्तस्तनितसुभगं पास्यसि स्वादु यस्मा-
त्सभ्रूभङ्गं मुखमिव पयो वेत्रवत्याश्चलोर्मि ||

तेच दिकेक वच तुका गावतली राजधानी नामनेची विदिशा
पूर्ण जातात जंय दुबावा विरयत कामी लोकांच्यो जायत्यो इत्सा
गरड घालून नी ल्हारां वाडोवन तूं देगेर बागतलो उदकाक चुमपाक
वेत्रवती न्हंय तेन्ना आपणाल्यो भोंवयो ताणटली तुका खुणावपाक

||२५||

नीचैराख्यं गिरिमधिवसेस्तत्र विश्रामहेतो -
स्त्वत्संपर्कात्पुलकितमिव प्रौढपुष्पैः कदम्बैः।
यः पण्यस्त्रीरतिपरिमलोद् गारिभिर्नागराणा
मुद्दामानि प्रथयति शिलावेश्मभिर्यौवनानि ॥

तुजो स्पर्श जावन कळंब रुखांर जंय हांसत्या फुलांचो दिसता भार
रोमांचीत त्या निचै पर्वतार विसवा खातीर तूं मातसो थार
थंयच्या शिळांचेर गणिकां सांगाता संभोगातूर गुल्ल जनगण
रतिलीलेचो गंध भोंवतणी सुचयत आसतलो मस्तें तन्नेपण

॥२६॥

विश्रान्तः सन्व्रज वननदीतीरजातानि सिञ्च-
न्नुद्यानानां नवजलकणैर्यूथिकाजालकानि।
गण्डस्वेदापनयनरूजाक्लान्तकर्णोत्पलानां
छायादानात्क्षणपरिचितः पुष्पलावीमुखानाम् ॥

मात्सो विसव घेवन मुखार वच तूं रान न्हंयांच्या देगां वयल्यान
फुलांवागेंतल्या जुयांक भिजय तूं उदकाच्यो सरी शिंपडून वयल्यान
कानां वयलीं साळकां सुकलीं पोल्यां वेलो पुसून घाम
फुलां पुंजावपी अश्या फुलकान्नींक चुमचें तुगेले सांवळेंत सान

||२७||

वक्रः पन्था यदपि भवतः प्रस्थितस्योत्तराशां
सौधोत्सङ्गप्रणयविमुखो मा स्म भूरुज्जयिन्याः ।
विद्युद्दामस्फुरितचकितैस्तत्र पौराङ्गनानां
लोलापाङ्गैर्यदि न रमसे लोचनैर्वञ्चितोऽसि ॥

उत्तरेक तुवें वळचें मेघा आसली जरी ती वांकडी वाट
उज्जयिनीच्या व्हडल्या वाड्यांचो पळोवन घे तूं थाट
ह्या गांवांतल्यो सुंदर बायलो जेन्ना दिपतल्यो विजे उजवाडांत
कटाक्ष चंचल जांणीं देखले नात तांची निर्फळ जीण ह्या जगांत

||२८||

विचिक्षोभस्तनितविहगश्रेणिकाञ्चीगुणायाः
संसर्पन्त्याः स्खलितसुभगं दर्शितावर्तनाभेः ।
निर्विन्ध्यायाः पथि भव रसाभ्यन्तरः सन्निपत्य
स्त्रीणामाद्यं प्रणयवचनं विभ्रमो हि प्रियेषु ॥

खळखळ ल्हारां सवण्यां माळो मेखला कश्यो किणकिण हालता
उदकार आयला भोंवरो काय तो निर्विन्ध्येची ऩाभी दिसता
कामातूर तं न्हंयेचेर बागोवन इल्लें तुवें रससेवन करचें
लाडीक वर्तन करून विलासिनी उतर दितात प्रणयाचें

॥२९॥

वेणीभूतप्रतनुसलिला तामतीतस्य सिन्धुः
पाण्डुच्छाया तटरुहतरुभ्रंशिभिर्जीर्णपर्णैः।
सौभाग्यं ते सुभग विरहावस्थया व्यञ्जयन्ती
कार्श्यं येन त्यजति विधिना स त्वयैवोपपाद्यः ॥

उदक आटलें सिंधू न्हंयेचें, विणयेवरी ती बारीक जाली
रुखावळीचीं गळ्ळीं पानां तातूंत फटक ती दिसूंक लागली
भाग्य तुगेलें म्हणून इश्टा विरहावस्था तिची सुचयता
सखिची कृशताय, तिचेर उपाय जाय, सोद नवो आतां

||३०||

प्राप्यावन्तीनुदयनकथाकोविदग्रामवृद्धा-
न्पूर्वोद्दिष्टामनुसर पुरीं श्रीविशालां विशालाम् ।
स्वल्पीभूते सुचरितफले स्वर्गिणां गां गतानां
शेषैः पुण्यैर्हृतमिव दिवः कान्तिमत्खण्डमेकम् ॥

अवंतीक वच, जाणटे थंयचे रंगोवन सांगती उदयन-काणी
मुखार लागतली नगरी विशाला, जिका वसयली सर्गेस्तांनीं
सर्गार पावले तांकां जेन्ना दिसलें आपणालें पुण्य उणावलें
उरीत पुण्याये नाड्यार झगझगीत सर्गखण्ड हें भुंयेर हाडलें

॥३१॥

दीर्घीकुर्वन्पटु मदकलं कूजितं सारसानां
प्रत्यूषेषु स्फुटितकमलामोदमैत्रीकषायः।
यत्र स्त्रीणां हरति सुरतग्लानिमङ्गानुकूलः
शिप्रावातः प्रियतम इव प्रार्थनाचाटुकारः ॥

किलबील सारस पक्षी करतात पयस आवाज तो व्हरून,
फांत्यापाराचेर फुलती साळकां भोंवर तांचेर मारून
शिप्रे वयलो थंडसो वारो रमणींची रतीग्लानी न्हिवयता
सजणूच जणू काय, कानांत तांचे ठांय, मनधरणेची भास उलयता

||३२||

हारान्स्तारान्स्तरलगुटिकान्कोटिशः शङ्खशुक्तीः
शष्पश्यामान्मरकतमणीनुन्मयूखप्ररोहान् ।
दृष्ट्वा यस्यां विपणिरचितान्विद्रुमाणां च भङ्गा-
न्संलक्ष्यन्ते सलिलनिधयस्तोयमात्रावशेषाः ||

हारांत बसयल्यां वज्रां आनी शंख शिपयांच्यो राशी जंयसर
पांचव्या तणावरी पाचू किरणां चकचक हाडटी सगलो वाठारभर
प्रवाळखंडय विकरेक मांडल्यात भरून ओततात पेठो
संपत हांगची पळोवन दिसता दर्याचो तळ केलो रितो

॥३३॥

प्रद्योतस्य प्रियदुहितरं वत्सराजोऽत्र जह्रे
हैमं तालद्रुमवनमभूदत्र तस्यैव राज्ञः।
अत्रोद्भ्रान्तः किल नलगिरिः स्तम्भमुत्पाट्य दर्पा -
दित्यागन्तून् रमयति जनो यत्र बन्धूनभिज्ञः ॥

वत्सराजान हाडली हांगा प्रद्योताचे लाडके धुवेक
त्याच राजान वसयलेलें सोबीत स्वर्णतालवन एक
हांगाच नलगिरी हतयान रागान खांबो उडयल्लो हुमटून
येतल्या वतल्याक लोककथा ही गांवकार सांगतात रंगून

||३४||

जालोद्गीर्णैरूपचितवपुः केशसंकारधूपैः
बन्धुप्रीत्या भवनशिखिभिर्दत्तनृत्योपहारः ।
हर्म्येष्वस्याः कुसुमसुरभिष्वध्वखेदं नयेथा
लक्ष्मीं पश्यंल्ललितवनितापादरागाङ्‌कितेषु ॥

वायलां केंसांतलो धूप जाळयेंतल्यान रिगून आंगांत पुश्ट करतलो
भावकी मानून मोर घरांतलो तुज्या येवकाराक तुश्ट नाचतलो
जंयचे जमनीर उदेवन उरल्यांत शिणगारिणीचीं रंगीत पावलां
न्हिवूं तुजो शिणभाग वाटेचो पळोवन घरां जंय घमघम भरला

॥३५॥

भर्तुः कण्ठच्छविरिति गणैः सादरं वीक्ष्यमाणः
पुण्यं यायास्त्रिभुवनगुरोर्धाम चण्डीश्वरस्य।
धूतोद्यानं कुवलयरजोगन्धिभिर्गन्धवत्या -
स्तोयक्रीडानिरतयुवतिस्नानतिक्तैर्मरुद्भिः ॥

गळो सांवळो हो दिसता शिवाचो समजून गण ते तुका तोखेतले
गौरीहराचें मंदीर सोदल्यार दर्शन घेवपाक तुका मेळटलें
न्हावपाक युवती येतात तेन्ना वटणें परमळीत जळीं भरसता
कमळां भरिल्या उपवनांत त्या परागां वांगडा परमळ व्हांवता

॥३६॥

अप्यन्यस्मिञ्जलधर महाकालमासाद्य काले
स्थातव्यं ते नयनविषयं यावदत्येति भानुः।
कुर्वन्सन्ध्याबलिपटहतां शूलिनः श्लाघनीया -
मामन्द्राणां फलमविकलं लप्स्यसे गर्जितानाम् ॥

महाकाल मंदिरांत येवन थांब आदींच पावलो तरी
सुर्यास्ताचो काळ वचूंक दी वेळ मागीरची बरी
सांजचे पुजेच्या वेळार नगारो जावन तुवें वावुरचें
ल्हवसो घडघड घडोवन हाडून, इश्टा फळ घेवचें

||३७||

पादन्यासैः क्वणितरशनास्तत्र लीलावधूतै
रत्नच्छायाखचितवलिभिश्चामरैः क्लान्तहस्ताः।
वेश्यास्त्वत्तो नखपदसुखान्प्राप्य वर्षाग्रबिन्दू -
नामोक्ष्यन्ते त्वयि मधुकरश्रेणिदीर्घान्कटाक्षान् ॥

कमर पोट्याची करीत किणकीण गणिका थिरकिता पावली
रत्नां मढयिल्ल्या मुठींचीं चवरां शिवाचेर ढाळीत रावली
पयसाय तांचो शिणभाग आतां शिंवराय थेंबे नाखटां तोंकांचेर
कामिनी तिरप्यो नदरो मारतल्यो भुलून तुगेल्या मुखामळाचेर

||३८||

पश्चादुच्चैर्भुजतरुवनं मण्डलेनाभिलीनः
सान्ध्यं तेजः प्रतिनवजपापुष्परक्तं दधानः ।
नृत्यारम्भे हर पशुपतेरार्द्रनागाजिनेच्छां
शान्तोद्वेगस्तिमितनयनं दृष्टभक्तिर्भवान्या ||

भोंवतणी भुजां भोंवंडावन जेन्ना म्हादेव तांडव करूंक लागतलो
सांजेक येतलो रंग दसणीचो, शीव भुजांचेर वलय हाडटलो
नृत्या आदीं शिवा भोंवतणी वल्या चवराची कर रेवडावणी
प्रसन्न नदरेन शांत चित्त ती मोगान पळेतली तुका भवानी

॥३९॥

गच्छन्तीनां रमणवसतिं योषितां तत्र नक्तं
रुध्दालोके नरपतिपथे सूचिभेद्यैस्तमोभिः।
सौदामिन्या कनकनिकषस्निग्धया दर्शयोर्वीं
तोयोत्सर्गस्तनितमुखरो मा स्म भूर्विक्लवास्ताः ॥

अभिसारोत्सुक रमणी प्रियाळा भेटेक रातच्यो भायर सरतल्यो
भिण्ण काळखाच्या राजरस्त्याचेर पावल्यो तांच्यो अडून उरतल्यो
वाट तांगेली विजेन उजळाय भांगरा रेखा जशी कशिचे साणीचेर
विलासिनी त्यो मुळांत भितऱ्यो, वाडोवं नाका भंय, गर्जून तांचेर

॥४०॥

तां कस्याञ्चिद्भवनवलभौ सुप्तपारावतायां
नीत्वा रात्रिं चिरविलसनात्खिन्नविद्युत्कलत्रः।
दृष्टे सूर्ये पुनरपि भवान्वाहयेदध्वशेषं
मन्दायन्ते न खलु सुहृदामभ्युपेतार्थकृत्याः ॥

वीज प्रिया तुजी जोगलावन शिणल्यार रात तुवें ती सारची थंयसर
घरांपाख्यांच्या सांदी कोनशांत सुस्त न्हिदेल्यात पारवे जंयसर
फांत्यापाराचेर सूर्य उदेतना परतून सर तूं भायर प्रवासाक
इश्टाहिताची वान्सा बाळगुपी त्या कामाक ना करचे आडसाक

||४१||

तस्मिन् काले नयनसलिलं योषितां खण्डितानां
शान्तिं नेयं प्रणयिभिरतो वर्त्म भानोस्त्यजाशु।
प्रालेयास्त्रं कमलवदनात्सोऽपि हर्तुं नलिन्याः
प्रत्यावृत्तस्त्वयि कररुधि स्यादनल्पाभ्यसूयः ॥

रागार फुगारशो रमणी, तांचे आपल्या हातांनी दोळे पुसचे
आयती संद ही प्रणयी जनांक हे इश्टा तुवें गा समजून आसचें
सुर्या वाटेंतल्यान कुशीक सर तूं, नाका आडावंक तूं किर्णां ताचीं
उतावीळ तोय जाला पुसपाक कमळदळांचीं दुकां दंवाचीं

||४२||

गम्भीरायाः पयसि सरितश्चेतसीव प्रसन्ने
छायात्माापि प्रकृतिसुभगो लप्स्यते ते प्रवेशम्।
तस्मादस्याः कुमुदविशदान्यर्हसि त्वं न धैर्या -
न्मोघीकर्तुं चटुलशफरोद्वर्तनप्रेक्षितानि ॥

गंभीर न्हंयच्या नितळ जळामदीं जेन्ना दिसतलें बिंब तुगेलें
तूं रिगला काळजांत तिगेल्या अशें पळेतल्याक खचीत दिसतलें
उदकांत भोंवपी नुस्तीं म्हणचे कमळधवेशे कटाक्ष सखीचे
अर्थ तांगेलो समजून घे तूं, निर्फळूं नाका इप्सीत तांचें

||४३||

तस्याः किंचित्करधृतमिव प्राप्तवानीरशाखं
नीत्वा नीलं सलिलवसनं मुक्तरोधोनितम्बम् ।
प्रस्थानं ते कथमपि सखे लम्बमानस्य भावि
ज्ञातास्वादो विवृतजघनां को विहातुं समर्थः ॥

वेळू बागवले, उदकाक तेंकले दिसती सामके हात कशे
निळ्या जळाचें न्हेसण तिगेलें कमरेवेल्यान ओडूंक पिशे
तिचेर ओणवो कामोत्सूक तूं, प्रयाण येवजूचें तुका कशें
प्रणय रसाचो जाणकार केन्ना वस्त्रविरयतेक सोडटा अशें

||४४||

त्वन्निष्यन्दोच्छ्वसितवसुधागन्धसंपर्करम्यः
स्रोतोरन्ध्रध्वनितसुभगं दन्तिभिः पीयमानः ।
नीचैर्वास्यत्युपजिगमिषोर्देवपूर्वं गिरिं ते
शीतो वायुः परिणमयिता काननोदुम्बराणाम् ॥

तुज्या सरींनीं भिजली धर्तरी उस्वासान परमळटा
शीतळ वारो हतींक सुखयता तांचीं गर्जितां जातात
रानांत झाडांचेर जाल्ल्या फळांक तो अदीक पिकवणी हाडटा
देवगिरीक तूं वतना तुजेरय मंद थाप ताची पडटा

||४५||

तत्र स्कन्दं नियतवसतिं पुष्पमेघीकृतात्मा
पुष्पासारैः स्नपयतु भवान् व्योमगङ्गाजलार्द्रैः ।
रक्षाहेतोर्नवशशिभृता वासवीनां चमूना -
मत्यादित्यं हुतवहमुखे संभ्रृतं तद्धि तेजः ॥

कार्तिकेय जंय रावता थंयसर तुवें जावंचेलो मेघ फुलांचो
स्वर्गंगेच्या जळांत भिजिल्ल्या फुलांनीं ताका पुष्पन्हाणोवंचो
इंद्रसेनेचे राखणे खातीर शिवान सांचयलें उज्यांत तेज
तातूंत जल्मलो कार्तिकेय जो सुर्या परसय अदीक सतेज

॥४६॥

ज्योतिर्लेखावलयि गलितं यस्य बर्हं भवानी
पुत्रप्रेम्णा कुवलयदलप्रापि कर्णे करोति।
धौतापाङ्गं हरशशिरुचा पावकेस्तं मयूरं
पश्चादद्रिग्रहणगुरुभिर्गर्जितैर्नर्तयेथाः ॥

चंद्रकोर शिवमाथ्यावेली लिकलीक हाडटा जाच्या दोळ्यांक
स्कंदाच्या त्या मोराक नाचय तूं मेकळे सोडून तुज्या घडघड्यांक
धुंद नाचतनां आपशीं गळटलें नक्षीदार एक पांख तागेलें
पुता मोगान ती देवता खोयतली, कमळदेंठा सयत करून कानांतलें

||४७||

आराध्यैनं शरवणभवं देवमुल्लङ्घिताध्वा
सिद्धद्वन्द्वैर्जलकणभयाद्वीणिभिर्मुक्तमार्गः ।
व्यालम्बेथाः सुरभितनयालम्भजां मानयिष्यन्
स्रोतोमूर्त्या भुवि परिणतां रन्तिदेवस्य कीर्तिम् ॥

वेताकुळयेच्या स्कंदाक अर्गून गिरी जेन्ना तूं पार करतलो
मुरलीधर सिद्धांचीं जोडपीं भिजपा भिरांतीन कुशीक सरतलीं
मुखार दिसतली न्हंय चर्मण्वती, कामधेनूची धूव मानाची
रन्तिदेव राजाची कीर्त जलधारेच्या रुपान उरपाची

||४८||

त्वय्यादातुं जलमवनते शार्ङ्गिणो वर्णचौरे
तस्याः सिन्धोः पृथुमपि तनुं दूरभावात्प्रवाहम् ।
प्रेक्षिष्यन्ते गगनगतयो नूनमावर्ज्य दृष्टी -
रेकं मुक्तागुणमिव भुवः स्थूलमध्येन्द्रनीलम् ॥

श्रीकृष्णावरी श्यामल वर्णी तूं, तिचेर ओणवेलो उदक पियेवपाक
मळबांत भोंवपी गंधर्वांच्यो मानो वळटल्यो तिका पळोवपाक
जळभारान न्हंय तुडुंब तरी ती पयससून दिसता बारीक शिडशिडीत
वसुंधरेच्या हड्ड्यार दिसता हार मोतयांचो इन्द्रनिळा सयत

||४९||

तामुत्तीर्य व्रज परिचितभ्रूलताविभ्रमाणां
पक्ष्मोत्क्षेपादुपरिविलसत्कृष्णशारप्रभाणाम् ।
कुन्दक्षेपानुगमधुकरश्रीमुषामात्मबिम्बं
पात्रीकुर्वन् दशपुरवधूनेत्रकौतूहलानाम् ।।

पार करून न्हंय मुखार वच तूं दशपुरनगरी तुका लागतली
सुंदर थंयच्यो बायलो, तांची नदर तुजेरूच खिळून उरतली
भोंवयो फिरोवंचें कसब तांगेलें खासा तुज्या प्रत्ययाक येतलें
वाऱ्यार धोलपी कुंद कळ्यांचेर भोंवपी भोंवरांक लेगीत लजयतले

||५०||

ब्रह्मावर्तं जनपदमथ च्छायया गाहमानः
क्षेत्रं क्षत्रप्रधनपिशुनं कौरवं तद् भजेथाः।
राजन्यानां शितशरशतैर्यत्र गाण्डीवधन्वा
धारापातैस्त्वमिव कमलान्यभ्यवर्षन्मुखानि ॥

ब्रह्मावर्ताचेर सांवळी घालून भूंयेर वच तूं कुरुक्षेत्राचे
तुंबळ झुजले रणधीर जंयसर घालून घाये खर शस्त्रांचे
धनुश्यधारी अर्जुनान ओतलो आपल्या बाणांचो असो घसघसो
जसो तूं ओतता कमळ फुलांचेर थांबनासतनां धुवांधारसो

||५१||

हित्वा हालामभिमतरसां रेवतीलोचनाङ्कां
बन्धुप्रीत्या समरविमुखो लाङ्गली याः सिषेवे।
कृत्वा तासामभिगममपां सौम्य सारस्वतीना -
मन्तःशुद्धस्त्वमपि भविता वर्णमात्रेण कृष्णः ||

भावंडां वयल्या मोगाक लागून झुजाक विटून बलराम परतता
रेवती हातची मादक मदिरा तिचेकडे तो फाट परतिता
सरस्वतीचें पावन तीर्थ जें आपल्या हातान प्राशन करता
अंतरंग जावंक धवो पियेवंचें, भायल्यान जरी तूं सांवळो उरता

॥५२॥

तस्माद्गच्छेरनुकनखलं शैलराजावतीर्णां
जह्नोः कन्यां सगरतनयस्वर्गसोपानपङ्क्तिम्।
गौरीवक्त्रभ्रुकुटिरचनां या विहस्येव फेनैः शंभोः
केशग्रहणमकरोदिन्दुलग्नोर्मिहस्ता ॥

मुखार थंयच्यान कनखल काडून जान्हवी न्हंयेच्या वच तूं लागसार आपले कुडीचीं सपणा करून जी सुर्य वंशियाक व्हरता सर्गार पार्वतीच्या ताणिल्ल्या भोवयांचेर फेंसा रुपान जी खुदुखुदू हांसता आनी चंद्रिम्या वांगडा खेळटनां शिवामाथ्याच्यो जटा पकडटा

॥५३॥

तस्याः पातुं सुरगज इव व्योम्नि पश्चार्धलम्बी
त्वं चेदच्छस्फटिकविशदं तर्कयेस्तिर्यगम्भः ।
संसर्पन्त्या सपदि भवतः स्रोतसि च्छाययासौ
स्यादस्थानोपगतयमुनासङ्गमेवाभिरामा ॥

देवगजावरी तूं मळबांतल्यान इल्लो तिरपो जावन झुकतलो
स्फटीक नितळशें जळ गंगेचें उतावळ्यांनी तोंडाक लायतलो
तुजी सांवळी सावळी तेन्ना फुल्ल धवे गंगेर पडटली
प्रयाग सोडून हेर सुवातेर गंगेक यमुना भेटली दिसतली

||५४||

आसीनानां सुरभितशिलं नाभिगन्धैर्मृगाणां
तस्या एव प्रभवमचलं प्राप्य गौरं तुषारैः।
वक्ष्यस्यध्वश्रमविनयने तस्य शृङ्गे निषण्णः
शोभां शुभ्रत्रिनयनवृषोत्खातपङ्कोपमेयाम् ॥

शुभ्र धवीं कारंजीं निर्मुपी गंगेचें हें उगमाचें स्थळ
कस्तुरी हरणां बसपी हांगासर त्या खडपांचेर मादक परमळ
ते हिमगोरे पर्वत तेमकेर शिणभागाक तूं जेन्ना रावतलो
शिंगानीं खणिल्ले मातयेन भरिल्लो नंदी शिवाचो कसो दिसतलो

॥५५॥

तं चेद्वायौ सरति सरलस्कंधसंघट्टजन्मा
बाधेतोल्काक्षपितचमरीबालभारो दवाग्निः।
अर्हस्येनं शमयितुमलं वारिधारासहस्त्रै -
रापन्नार्तिप्रशमनफलाः संपदो ह्युत्तमानाम् ॥

रानवटी वा-यान खांदयो घांसून देवदारांचो वणवो पेट्टलो
किट्टी उसळून ल्हंव लाशिल्ल्यान वनगायांचो हुलोप वाडटलो
सहस्त्र जळधारांनी तेन्ना तुवें पालोवंचो हो वडवानळ
दुखी मनशाच्या दुखाक पावचें, गिरेस्तकाये हेंच खरें फळ

||५६||

ये संरम्भोत्पतनरभसाः स्वाङ्गभङ्गाय तस्मिन्
मुक्ताध्वानं सपदि शरभा लङ्घयेयुर्भवन्तम्।
तान्कुर्वीथास्तुमुलकरकावृष्टिपातावकीर्णान्
के वा न स्युः परिभवपदं निष्फलारम्भयत्नाः ||

सोडून आपलो मार्ग हतयांचे पिले तुजे जर वाटेक आयले
रागाच्या भारांत आंगार येवन तुजेकडे झुज मांडूंक लागले
गारांचो भडिमार करून तूं उडय तारांबळ तांची
नसतें साहस करूंक धजपी जे तांकां बुद्द शिकोवंची

||५७||

तत्र व्यक्तं दृषदि चरणन्यासमर्धेन्दुमौलेः
शश्वत्सिद्धैरुपचितबलिं भक्तिनम्रः परीयाः।
यस्मिन्दृष्टे करणविगमादूर्ध्वमुद्धूतपापाः
संकल्पन्ते स्थिरगणपदप्राप्तये श्रद्दधानाः ॥

थंय खडपाचेर सपश्ट दिसता, एक उटावलां पावल शिवाचें
सिद्ध लोकांचें पावन थळ तें, तुवेंय भक्तिनत थंयसर जावचें
स्रद्धावानांचें दर्शनान त्या जल्मा पसूनचें पाप निस्तरता
देहावसाना उपरांत सासणांक तांकां गणामदीं सुवात उरता

॥५८॥

शब्दायन्ते मधुरमनिलैः कीचकाः पूर्यमाणाः
संसक्ताभिस्त्रिपुरविजयो गीयते किन्नरीभिः।
निर्ह्रादी ते मूरज इव चेत्कन्दरेषु ध्वनिः स्यात्
संगीतार्थो ननु पशुपतेस्तत्र भावी समग्रः ॥

वारो रिगल्यार वेळू भितरल्यान सूर मुरलीचे गोड वाजतले
साथीक तांच्या किन्नरीं गळे त्रिपूर विजयाचें गायन गायतले
होंवऱ्यां-घळींतलीं तुजीं गर्जितां मृदंग जावन जर हातूंत भरसलीं
समजून राव तूं, शिवपूजेच्या संगिताची पुराय तयारी जाली

||५९||

प्रालेयाद्रेरुपतटमतिक्रम्य तांस्तान्विशेषान्
हंसद्वारं भृगुपतियशोवर्त्म यत्क्रौञ्चरन्ध्रम्।
तेनोदीचीं दिशमनुसरेस्तिर्यगायामशोभी
श्यामः पादो बलिनियमनाभ्युद्यतस्येव विष्णोः ||

हिमालयाच्या तटा वेल्यान चल तुका दिसतलीं दृश्यां आगळीं
परशुरामाचे यश-यादस्तेक क्रौंचरंध्र, तशीं हांयसां भोंवतलीं
उत्तरेक तूं वतना दिसतलें तिरपें जडशें आंग तुगेलें
जशें विष्णूचें पावल सांवळें बळीदमनाच्या वेळार उखललें

॥६०॥

गत्वा चोर्ध्वं दशमुखभुजोच्छ्वासितप्रस्थसंधेः
कैलासस्य त्रिदशवनितादर्पणस्यातिथिः स्याः।
शृङ्गोच्छ्रायैः कुमुदविशदैर्यो वितत्य स्थितः खं
राशीभूतः प्रतिदिनमिव त्र्यम्बकस्याट्टहासः ॥

बळीश्ट आपल्या हातांनीं दशमुख रावण जाका खिळखिळायता
देवांगनाच्या प्रसाधनाचो हारसो कसो जो सुंदर सोबता
कुमुद फुलांवरी धवो फुल्ल तो, अतिथी जा त्या कैलासाचो
शिखरां न्हय तीं थंय एकठावला खदखद हांसो सदचो शिवाचो

॥६१॥

उत्पश्यामि त्वयि तटगते स्निग्धभिन्नाञ्जनामे
सद्यःकृत्तद्विरददशनच्छेदगौरस्य तस्य।
शोभामद्रेः स्तिमितनयनप्रेक्षणीयां भवित्री
मंसन्यस्ते सति हलभृतो मेचके वाससीव ॥

आत्तां कापिल्ल्या हस्ती दांतावरी धवो फुल्ल तो कैलास सोबता
ताचेर तूं काळो किट्ट आंगाचो काजळ लेपून आयला दिसता
तुज्या सांगाता गिरी मिरयता सुंदर सोबीत जोडी सोबता
गोऱ्या बलरामान खांदार उडयल्या काळी कुळकुळीत कांबळ भासता

॥६२॥

हित्वा तस्मिन्भुजगवलयं शंभुना दत्तहस्ता
क्रीडाशैले यदि च विचरेत्पादचारेण गौरी।
भङ्गीभक्त्या विरचितवपुः स्तम्भितान्तर्जलौघः
सोपानत्वं कुरु मणितटारोहणायाग्रयायी ॥

क्रिडापर्वतार पायांनी भोंवपाक जेन्ना पार्वती मुखार सरता
सोरपा वलय हातांतलें काडून शीव गौरीच्या हातांत हात दिता
वयर सकयल त्या मार्गाक मेटय तुज्या उदकाची करून आडावणी
तुजे कुडीचीं सपणां जावंचीं तांची सुखाची करपाक भोंवडी

||६३||

तत्रावश्यं वलयकुलिशोद्घट्टनोद् गीर्णतोयं
नेष्यन्ति त्वां सुरयुवतयो यंत्रधारागृहत्वं।
ताभ्यो मोक्षस्तव यदि सखे धर्मलब्धस्य न स्यात्
क्रीडालोलाः श्रवणपरुषैर्गर्जितैर्भाययेस्ताः ||

कैलासाच्या सुरयुवतींच्या कांकणां धारो तुका तोपतल्यो
तेन्ना तुज्यांतल्यो उदका धारो तांच्या आंगार फवार जातल्यो
हे जळक्रीडेंत रंगून जर त्यो तुजी करीनात सुटका
गगन गाजोवपी गर्जना करून सख्या, तूं भेश्टाय तांकां

॥६४॥

हेमाम्भोजप्रसवि सलिलं मानसस्याददानः
कुर्वन्कामं क्षणमुखपटप्रीतिमैरावतस्य ।
धुन्वन्कल्पद्रुमकिसलयान्यंशुकानीव वातै -
र्नानाचेष्टैर्जलद ललितैर्निर्विशेस्तं नगेन्द्रम् ॥

मानसजळ तूं पियेवन घे तें, जंयसर भांगरा कमळां फुलती
खिणभर पसराय पड्डो तांचेर ऐरावत जे थंयसर भोंवती
नर्तना वेळार शेलो हालयतासो कल्पतरूचीं झेलय तूं झोपां
कैलासाचेर विसवतनां तूं पळे सुखाचीं जायतीं हीं रुपां

||६५||

तस्योत्सङ्गे प्रणयिन इव स्त्रस्तगङ्गादुकूलां
न त्वं दृष्ट्वा न पुनरलकां ज्ञास्यसे कामचारिन्।
या वः काले वहति सलिलोद्गारमुच्चैर्विमाना
मुक्ताजालग्रथितमलकं कामिनीवाभ्रवृन्दम् ||

कैलासाचे मांडयेर जशी काय ताची प्रणयिनी सुखान विसावली
तुका दिसतली अलका कमराचें गंगेरुपाचें वस्त्र निसरली
उदक भरिल्ल्या ढगांनीं लिपिल्ले इमले थंयचे पावसा दिसांनीं
पळोवंक दिसतलें अलका नटल्या माळून मोतयांच्यो माळो केंसांनीं

खंड २ - उत्तरमेघ

॥१॥

विद्युत्वन्तं ललितवनिताः सेन्द्रचापं सचित्राः
संगीताय प्रहतमुरजाः स्निग्धगम्भीरघोषम्।
अन्तस्तोयं मणिमयभुवस्तुङ्गमभ्रंलिहाग्राः
प्रासादास्त्वां तुलयितुमलं यत्र तैस्तैर्विशेषैः ॥

विजेवरी थंय झगमग बायलो चित्रां थंयचीं इंद्रधोणूवरी
गंभीरशे जशे घोश तुगेले, मृदंगाचे थंय नाद सुस्वरी
रत्नां माणकां भुंयेर चमकता, जशें तुगेलें झगझगतें जळ
इमले तुजेवरी गगनाक चुमपी, तुज्यांत तांचें दरेक समस्थळ

||२||

हस्ते लीलाकमलमलके बालकुन्दानुविद्धं
नीता लोध्रप्रसवरजसा पाण्डुतामानने श्रीः।
चूडापाशे नवकुरबकं चारु कर्णे शिरीषं
सीमन्ते च त्वदुपगमजं यत्र नीपं वधूनाम् ॥

कामिनी थंयच्यो कुंदां माळून कमळ फुलांकय हातांत खेळयती
लोध्र फुलांचे पराग लेपून मुखामळां गोरसाण वाढयती
आंबाड्या भोंवतणीं कोरांटी आनी शिरस फुलां त्यो कानार खोयती
तुज्या आगमनान कदंब फुलतात. तांच्या फुलांनीं भांग सजयती

॥३॥

यत्रोन्मत्तभ्रमरमुखराः पादपा नित्यपुष्पा
हंसश्रेणीरचितरशना नित्यपद्मा नलिन्यः।
केकोत्कण्ठा भवनशिखिनो नित्यभास्वत्कलापा
नित्यज्योत्स्नाः प्रतिहततमोवृत्तिरम्याः प्रदोषाः ॥

सदां फुलिल्ल्या थंयच्या रुखांचेर गुंजन करपी भोंवरां राशी
सदां फुलपी कमलिनीं भोंवतणी हांयसांची माळ मेखला कशी
फुलोवन सुंदर आपलो पिसारो, घरांत पोशिल्ले मोर केकती
पुराय चंद्राच्या किर्णां घारांनीं सदांच राती चान्ने न्हाती

||४||

आनन्दोत्थं नयनसलिलं यत्र नान्यैर्निमित्तै -
र्नान्यस्तापः कुसुमशरजादिष्टसंयोगसाध्यात्।
नाप्यन्यस्मात्प्रणयकलहाद्विप्रयोगोपपत्ति -
र्वित्तेशानां न च खलु वयो यौवनादन्यदस्ति ॥

दुकां आयलीं तर फकत खोश्श्येचीं तांकां हेर कांय निमित्त नासता
मीलन सुख पयसावता तेन्नाच मदन बाणांची वेथा समजता
प्रणय कलह घडलोच तर फकत तितले पुरतो वियोग तांचो
तन्नेपणा भायर हेर पिराय ना होच खास गुण यक्ष जनांचो

||८||

यस्यां यक्षाः सितमणिमयान्येत्य हर्म्यस्थलानि
ज्योतिश्च्छायाकुसुमरचितान्युत्तमस्त्रीसहायाः।
आसेवन्ते मधु रतिफलं कल्पवृक्षप्रसूतं
त्वद्गम्भीरध्वनिषु शनकैः पुष्करेष्वाहतेषु ॥

स्फटिक भूंयेचेर नक्षीकाम जंय नक्षत्रांचें फुलां फुलांचें
सखया सांगाता यक्ष वावुरतात रत्नांनी घर सजलां तांचें
रतिफल नांवाची कल्पतरूची मदिरा गोडयेन सवका घोंटायती
तुजे गर्जनेवरी साथीक ते मृदंगाचे नाद हवेंत घुमयती

||६||

मन्दाकिन्याः सलिलशिशिरैः सेव्यमाना मरुद्भि -
र्मन्दाराणामनुतटरुहां छायया वारितोष्णाः।
अन्वेष्टव्यैः कनकसिकतामुष्टिनिक्षेपगूढैः
संक्रीडन्ते मणिभिरमरप्रार्थिता यत्र कन्याः ||

किरांव गंगेच्या पियेवन प्रवाहाक थंयचो वारो जालो शीतळ
मंदाराच्या रुखां सांवळ्यांनीं थंडथंडसो धर्तरेचो तळ
भांगरी रेवेंत लिपोवन रत्नां तांकां सोदपाचो खेळ खेळती
सोबीत सुंदर चलयो थंयच्यो खासाखुद्द देव तांकां वान्शिती

||७||

नीवीबन्धोच्छ्वसितशिथिलं यत्र बिम्बाधराणां
क्षौमं रागादनिभृतकरेष्वाक्षिपत्सु प्रियेषु।
अर्चिस्तुङ्गानभिमुखमपि प्राप्य रत्नप्रदीपान्
ह्रीमूढानां भवति विफल प्रेरणा चूर्णमुष्टिः ॥

सजणान निरयेक हात घालो तर, रसमी न्हेसण सैल सुटावता
तांबड्या ओंठांच्या ललनांक कळना कितें करपाचें, त्यो बावरतात
कुकूम मुठींनी दिव्यार मोखून, काळखांत उजवाड बुडोवंक पळेतात
रत्नदीप ते केन्ना पालवनात, ज्योत उंचायेर तशीच झळकता

॥८॥

नेत्रा नीताः सततगतिना यद्विमानाग्रभूमी -
रालेख्यानां नवजलकणैर्दोषमुत्पाद्य सद्यः ।
शङ्कास्पृष्टा इव जलमुचस्त्वादृशा जालमार्गै -
र्धूमोद्गारानुकृतिनिपुणा जर्जरा निष्पतन्ति ॥

तुजेवरी मेघ सातव्या मजल्यार वाऱ्या सांगाताक भितर धुकलतात
मंदिरांत घुसून वण्टीं वयलीं रंग चित्रणां धुंवरेवन उडयतात
अपराधी जावन भियेवन पुण ते जाळयेच्या जनेलाकडे धांवतात
रुपांतर घडोवन उदका कणांचें धुंवर जावन ते पळून वयतात

||९||

यत्र स्त्रीणां प्रियतमभुजालिङ्गनोच्छ्‌वासिताना -
मङ्गग्लानिं सुरतजनितां तन्तुजालावलम्बाः ।
त्वत्संरोधापगमविशदैश्चन्द्रपादैर्निशीथे
व्यालुम्पन्ति स्फुटजललवस्यन्दिनश्चन्द्रकान्ताः ॥

मध्यान राती रतीलिलेन जंय गात्रा गात्रांत शिणल्यो कामिनी
सजणाची मिठी सैल पडटकच आळसावन भरता न्हीद दोळ्यांनीं
वयर हुमकळपी चंद्रकांतमणी चान्या स्पर्शान अचळय विरतात
थेंब तागेले आंगार शिंपडून विलासिनींचो शीण घालयतात

||१०||

अक्षय्यान्तर्भवननिधयः प्रत्यहं रक्तकण्ठैः
उद्गायद्भिर्धनपतियशः किंनरैर्यत्र साधम्।
वैभ्राजाख्यं विबुधवनितावारमुख्यासहाया
बद्धालापा बहिरुपवनं कामिनो निर्विशन्ति ॥

वैभ्राज नांवाचें उपवन एकलें अलके भायल्या वाठारांत सोबता
कुबेराची थंय तुस्त सदां गावन यक्ष आपणालो मोग उकतायतात
मोगाराधना करपाक सांगाताक सर्गा वयल्यो गणिका सुंदर
सुरांत भरसूंक सूर आपणाले सदांच रावले तयार किन्नर

||११||

गत्युत्कम्पादलकपतितैर्यत्र मन्दारपुष्पैः
पत्रच्छेदैः कनककमलैः कर्णविभ्रंशिभिश्च।
मुक्ताजालैः स्तनपरिसरश्छिन्नसूत्रैश्च हारै -
नैंशो मार्गः सवितुरुदये सूच्यते कामिनीनाम् ||

सुर्य उदेतना मार्गार दिसतलीं फुलां माथ्यांतलीं गळून पडिल्लीं
कानां वयल्या भांगरी कमळांचीं दळां भोंवतणी शिंपडून पडिल्लीं
पुश्ट थानांचेर हालून आपटून तुटल्यो माळो मोतयांय गळ्ळीं
अभिसारोत्सूक रमणी हांगसून रातच्यो भोंविल्ल्यो नाट मेळटली

||१२||

वासश्चित्रं मधु नयनयोर्विभ्रमादेशदक्षं
पुष्पोभ्देदं सह किसलयैर्भूषणानां विकल्पान्।
लाक्षारागं चरणकमलन्यासयोग्यं च यस्या -
मेकः सूते सकलमबलामण्डनं कल्पवृक्षः ||

वस्त्रां चित्रांचीं, मदिरे धुंदी कटाक्ष करता चड उन्मादी
कोमल चंवरा सांगाता फुलां हीं, अळंकारांची व्हडली यादी
तळवे पायांचे रंगोवपाक लाख, विलासिनींचे जायते शिणगार
एक कल्पतरू फकत पुरो हे सगळे सोस घेवंक आपल्या आंगार

॥१३॥

पत्त्रश्यामा दिनकरहयस्पर्धिनो यत्र वाहाः
शैलोदग्रास्त्वमिव करिणो वृष्टिमन्तः प्रभेदात्।
योधाग्रण्यः प्रतिदशमुखं संयुगे तस्थिवांसः
प्रत्यादिष्टाभरणरुचयश्चन्द्रहासव्रणाङ्कैः ॥

थंयचे घोडे सुर्य रथाच्या घोड्या कडे गा पैजो लावपी
उंच दोंगरावरी अजस्त्र हत्ती मदभारान तुजे वरीच स्त्रावपी
शूरवीर, रणधीर ते, जांणीं रावणाक लेगीत झुजांत आडायलो
खड्ग तागेलें आंगार झेलून, माव अळंकार कसो मिरयलो

||१४||

मत्वा देवं धनपतिसखं यत्र साक्षाद्वसन्तं
प्रायश्चापं न वहति भयान्मन्मथः षट्पदज्यम् ।
सभ्रूभङ्गप्रहितनयनैः कामिलक्ष्येष्वमोघे -
स्तस्यारम्भश्चतुरवनिताविभ्रमैरेव सिद्धः ।।

मोगाळ इश्ट जो कुबेराचो तो सदाशीव साक्षात हांगाच रावता
भियेवन देखून भ्रमर-धोणवाचे बाण सोडपाचें मदन आडायता
कामी लोकांचेर पुणून कामिनी कटाक्ष सोडचें कशेंच थांबयना
भोंवत्यो भागिरत्यो प्रणय चतूर त्यो निशाण सादपाक तांकां लागना

॥१५॥

तत्रागारं धनपतिगृहानुत्तरेणास्मदीयं
दूराल्लक्ष्यं सुरपतिधनुश्चारुणा तोरणेन।
यस्योपान्ते कृतकतनयः कान्तया वर्धितो मे
हस्तप्राप्यस्तबकनमितो बालमन्दारवृक्षः ॥

कुबेरा घराक लागसार आसा उत्तरेक तें भवन आमगेलें
पयससून भरता दोळ्यांत सामकें इंद्रधोणूचें तोरण दारांतलें
सखीन म्हगेले प्रीय पूत कसो आंगणांत मोगान मंदार वाडयलो
हातार ताचे, गुच्छ झुकतले, सहज तुवें जर हात लांबयलो

||१६||

वापि चास्मिन्मरकतशिलाबद्धसोपानमार्गा
हैमैश्छन्ना विकचकमलैः स्निग्धवैदूर्यनालैः।
यस्यास्तोये कृतवसतयो मानसं संनिकृष्टं
ना ध्यास्यन्ति व्यपगतशुचस्त्वामपि प्रेक्ष्य हंसाः ||

बांयेक तेंकून तिच्यांत देंवपी पाचू माणकांचीं सपणां सुंदर
वैदूर्याच्या मणयां तोंकार भांगरा साळकां तरंगती थंयसर
हांयसां पेंवतनां उदकांत थंयच्या तुका पळोवन तीं तल्लीन जातात
मानस सरोवर लागीं तरीय तीं थंयसर वचपाक पुराय विसरतात

||१७||

तस्यास्तीरे रचितशिखरः पेशलैरिन्द्रनीलैः
क्रीडाशैलः कनककदलीवेष्टनप्रेक्षणीयः।
मद्गेहिन्याः प्रिय इति सखे चेतसा कातरेण
प्रेक्ष्योपान्तस्फुरिततडितं त्वां तमेव स्मरामि ||

लागींच खेळपाची एक दोंगुल्ली तिची तेमकुली नीलमणयांची
सोनकर्दळी वाडल्या भोंवतणी अदीक वाडयता सोबाय थंयची
निळ्या घना तूं विजेकडांनीं सोबता तें पळोवन तीच आठवता
म्हजे प्रियेची ती खुबूच आवडिची म्हणून उगडास खेद वाडयता

||१८||

रक्ताशोकश्चकिसलयः केसरश्चात्र कान्तः
प्रत्यासन्नौ कुरबकवृतेर्माधवीमण्डपस्य।
एकः सख्यास्तव सह मया वामपादाभिलाषी
कांक्षत्यन्यो वदनमदिरां दोहदच्छद्मनांस्याः ||

अशोक तांबडो थंयसर फुलता पालवी ताची वाऱ्यार धोलता
ओंवळी रूख पेल्यान गा ताच्या कोरांटिचो थंय माटव फुलता
एकलो म्हजे भशेन तुजे वयनिचे दावे खोंटेची वाट पळेता
घोंट मदिरेचो तिच्या तोंडांतलो आपणार पडपाक दुसरो रावता

||१९||

तन्मध्ये च स्फटिकफलका काञ्चनी वासयष्टि -
र्मूले बद्धा मणिभिरनतिप्रौढवंशप्रकाशैः ।
तालैः शिञ्जावलयसुभगैर्नर्तितः कान्तया मे
यामध्यास्ते दिवसविगमे नीलकण्ठः सुहृद्वः ॥

रुखां मदेकात स्फटीक शिळेचेर विसवाक भांगरी सत्री झळकता
तिच्या आदाराक मुळांत ओतिल्लीं सुंदर पांचवीं रत्नां चमकता
थंयच्या आमगेल्या घरच्या मोराक सखी म्हगेली नाच शिकयता
तालार ताळी दितनां तिगेल्या हातांत कांकणां किणकिण वाजता

||२०||

एभिः साधो हृदयनिहितैर्लक्षणैर्लक्षयेथा
द्वारोपान्ते लिखितवपुषौ शङ्खपद्मौ च दृष्ट्वा।
क्षामच्छायं भवनमधुना मद्वियोगेन नूनं
सूर्योपाये न खलु कमलं पुष्यति स्वामभिख्याम् ||

तुका म्हगेलें घर सोदतानां ह्याच खुणांची गरज भासतली
प्रवेस दारार दोनूय वटांनीं शंख पद्माचीं चित्रां आसतलीं
म्हजी रावतिका तुवें वळखली तरी दिसतली तिचेर अवकळा
अस्तंते उपरांत कमळांचीं दुःखी कश्टी जशीं मुखमळां

||२१||

गत्वा सद्यः कलभतनुतां शीघ्रसंपातहेतोः
क्रीडाशैले प्रथमकथिते रम्यसानौ निषण्णः।
अर्हस्यन्तर्भवनपतितां कर्तुमल्पाल्पभासं
खद्योतालीविलसितनिभां विद्युदुन्मेषदृष्टिम् ॥

गजबाळाचें रूप तुवें घेवचें सहज देंवतलो सकयल सारको
आदीं सांगिल्ले खेळां दोंगुल्लेर सुंदर तेमकेर इल्लो थारचो
तुजे विजेचे कटाक्ष घालून घराक भितरसून आदीं निरखुचें
तेज विजेचें पुण मंदावचें जशे कांजुले रातचे चमकुंचे

॥२२॥

तन्वी श्यामा शिखरिदशना पक्वबिम्बाधरोष्ठी
मध्ये क्षामा चकितहरिणीप्रेक्षणा निम्ननाभिः।
श्रोणीभारादलसगमना स्तोकनम्रा स्तनाभ्यां
या तत्र स्याद्युवतिविषये सृष्टिराद्येव धातुः ॥

काया शिडशिडीत, रेखीव कवळी, ओंठ तांबडेले पिकें तेंडलें
कमर बारकेली, सखोल बोमली, बावरिल्ल्या हरणाचे दोळे
धश्ट नितंबा, मंद चालिची, थानां भारान जी मातशी बागवली
अस्तुरेची ही पयलीच म्हुर्ती म्हजे खातीर ब्रह्म्यान घडयली

॥२३॥

तां जानीथाः परिमितकथां जीवितं मे द्वितीयं
दूरीभूते मयि सहचरे चक्रवाकीमिवैकाम्।
गाढोत्कण्ठा गुरुषु दिवसेष्वेषु गच्छत्सु बाला
जाता मन्ये शिशिरमथिता पद्मिनी वाऽन्यरूपा ॥

समज म्हगेलो प्राणूच दुसरो, अल्पभाशी ती म्हजी लाडकी
चवगांमदीं वा एकली आसतना झुरता आसतली विरहान सामकी
विरह वेदना कठीण सोंसतना निर्जीव सामकी जाल्या आसतली
शिशीर रुतूचो आघात सोंसून कमलिनी दिसता तशी दिसतली

||२४||

नूनं तस्याः प्रबलरुदितोच्छूननेत्रं प्रियाया
निःश्वासानामशिशिरतया भिन्नवर्णाधरोष्ठम् ।
हस्तन्यस्तं मुखमसकलव्यक्ति लम्बालकत्वाद्
इन्दोर्दैन्यं त्वदनुसरणक्लिष्टकान्तेर्बिभर्ति ॥

सदां रडून थंय सुजले आसतले म्हजे सखीचे दोळे
लांबशा, हुनशा तिच्या उस्वासान ओंठांचे करपून रंग बदलले
तळहाता वेलो मुखडो तिगेलो मेकळ्या केंसांच्या आडसाक धांकता
तुजे आड जशें काकुळतेणें बिंब चंद्राचें अर्दें लिपता

॥२५॥

आलोके ते निपतति पुरा सा बलिव्याकुला वा
मत्सादृश्यं विरहतनु वा भावगम्यं लिखन्ती।
पृच्छन्ती वा मधुरवचनां सारिकां पञ्जरस्थां
कच्चिद्भर्तुः स्मरसि रसिके त्वं हि तस्य प्रियेति ॥

तुका घडये ती देवाची पुजा रंगांत येवन करतनां दिसतली
नातर विरहान हाडकुळो लेखून म्हजें चित्र ती रेखता आसतली
घडये पांदऱ्यांतले साळोरेक ती प्रस्न विचारीत उबी दिसतली
“याद आसा गे, प्रियाळ म्हगेलो? म्हजेवरी तूंय लाडकी आसलेली”

||२६||

उत्सङ्गे वा मलिनवसने सौम्य निक्षिप्य वीणां
मद्गोत्राङ्कं विरचितपदं गेयमुद्गातुकामा।
तन्त्रीमार्द्रां नयनसलिलैः सारयित्वा कथं चिद्
भूयो भूयः स्वयमपि कृतां मूर्च्छनां विस्मरन्ती ||

अधूत वस्त्रांनीं म्हजी प्रिया थंय मांडयेर वीणा घेवन बसलेली
म्हजें नांव ज्या गीतांत गुंथलां अशें गीत ती गायता आसतली
गायता आसतना सरयो वीणेच्यो घळघळपी त्या दुकांनीं भिजल्यो
हाय! म्हगेली सखी विसरता सुरावटी ज्यो आपणेंच रचल्यो

॥२७॥

शेषान्मासान्विरहदिवसस्थापितस्यावधेर्वा
विन्यस्यन्ती भुवि गणनया देहलीदत्तपुष्पैः।
मत्सङ्गं वा हृदयनिहितारम्भमास्वादयन्ती
प्रायेणैते रमणविरहेष्वङ्गनानां विनोदाः ॥

एक एक दीस मेजपा खातीर ती हुमऱ्याचेर फुलां दवरता
विरह सोंसपाचे म्हयने कितले बाकी उरले मेजप करता
केन्ना केन्नाय रमल्या आसतली रंगोवन कल्पनेंत सांगात-चित्रां
विरहांत दिसता सगल्यो बायलो मनाक आपल्या अशोच थातारतात

॥२८॥

सव्यापारामहनि न तथा पीडयेन्मद्वियोगः
शङ्के रात्रौ गुरुतरशुचं निर्विनोदां सखीं ते।
मत्संदेशैः सुखयितुमलं पश्य साध्वीं निशीथे
तामुन्निद्रामवनिशयनां सौधवातायनस्थः ॥

घरांतल्या वावरांत घुसपून रावून दीस कसोय ती असोच सारतली
म्हज्या विरहाची रात पुणून ती एकली एकसुरी कशी काडटली?
भवनावयल्या जनेलांत रावून साध्वीक भेट तूं समयार रातच्या
न्हिदे विरयत तळमळटा जमनीर, सुखय तिका संदेशान गांठच्या

॥२९॥

आधिक्षामां विरहशयने संनिषण्णैकपार्श्वां
प्राचीमूले तनुमिव कलामात्रशेषां हिमांशोः।
नीता रात्रीः क्षण इव मया सार्धमिच्छारतैर्या
तामेवोष्णैर्विरहमहतीमश्रुभिर्यापयन्तीम् ॥

प्रिया कृश ती एके कुशीचेर हातुणार रातची न्हिदल्या आसतली
उदेंत दिकेचेर धवसार हळडुवी बारीक चंद्रकोर कशी दिसतली
मिलना वेळार खीणावरी जरी, विरहांत दिसता रात लांबलेली
दुखा भारान वेळ सारता विरहिणी, दुकां हुनहुनीत दोळ्यांत भरलेलीं

[stamp]

||३०||

पादानिन्दोरमृतशिशिराञ्जालमार्गप्रविष्टान्
पूर्वप्रीत्या गतमभिमुखं संनिवृत्तं तथैव।
चक्षुः खेदात्सलिलगुरुभिः पक्ष्मभिश्छादयन्तीं
साभ्रेऽह्नीव स्थलकमलिनीं नप्रबुद्धां नसुप्ताम् ||

जनेलां वाटेन घरांत येवपी अमृत शीतळ चान्ने सुखयता
प्रिया करून तोंड चान्न्या हेवटेन आदल्या सुखाच्यो यादी जागयता
इतल्यान दोळयांत दुकां पुंजावतात आनी पापण्यो तांचेर वल्यो
भूंयसाळकांच्यो कळयो जश्यो त्यो अर्द्यो मेटल्यो अर्द्यो उमलल्यो

||३१||

निःश्वासेनाधरकिसलयक्लेशिना विक्षिपन्तीं
शुद्धस्नानात्परुषमलकं नूनमागण्डलम्बम् ।
मत्संभोगः कथमुपनयेत् स्वप्नजोऽपीति निद्रा -
माकाङ्क्षन्तीं नयनसलिलोत्पीडरुद्धावकाशाम् ॥

हुनशा, लांबशा उस्वासांनी कोंबरी कोमल ओंठ करपतात
अभ्यंगाचें न्हाण नासलेलीं कुल्लां पोल्यांचेर सुकींच हुबतात
सपन संगमाक म्हज्या इत्सिता न्हीद, म्हगेली सखी खरी
दोळे भरिल्ल्यान न्हीद गेली आनी त्याय सुखाचेर आयली घुरी

॥३२॥

आद्ये बद्धा विरहदिवसे या शिखा दाम हित्वा
शापस्यान्ते विगलितशुचा तां मयोद्वेष्टनीयाम्।
स्पर्शक्लिष्टामयमितनखेनासकृत्सारयन्तीं
गण्डाभोगात्कठिनविषमामेकवेणीं करेण ॥

वियोग जालो सुरू तेन्ना सावन फुलां फांतयेवीण केंस सखीचे
विरहकाळ सोंपतलो तेन्ना ते म्हजेच हातसून फुलांनीं नटपाचे
तेला विरयतूच सुकीं कुल्लां तीं परतून परतून पोल्यार हुबतात
नाखटां वाडिल्ल्या बोटांनीं सारून तीं, परतून परतून सखी उबगता

||३३||

सा संन्यस्ताभरणमबला पेशलं धारयन्ती
शय्योत्सङ्गे निहितमसकृत् दुःखदुःखेन गात्रम्।
त्वामप्यस्त्रं नवजलमयं मोचयिष्यत्यवश्यं
प्रायः सर्वो भवति करुणावृत्तिरार्द्रान्तरात्मा ||

कृश कायेची प्रिया सारता दीस आंगार कसल्यो वस्ती नासतनां
घालून घेता हातुणार आपणाक दुखावेग दाटून आसतना
तिची अवस्था पळोवन तुगेल्या दोळ्यांक लागतल्यो आपशींच धारो
जांच्या काळजाक वलसाण आसता थंयच काकुटेचो लागता झरो

॥३४ ॥

जाने सख्यास्तव मयि मनः संभृतस्नेहमस्मा-
दित्थंभूतां प्रथमविरहे तामहं तर्कयामि।
वाचालं मां न खलु सुभगंमन्यभावः करोति
प्रत्यक्षं ते निखिलमचिराद्भ्रातरुक्तं मया यत् ॥

तुजे वयनीचो मोग म्हजेवेलो, तोड नासलेलो म्हाकाय कळटा
पयल्याच वियोगान तिची अवस्था कशी आसतली म्हाका समजता
बडबड न्हय ही बेश्टी म्हगेली, म्हज्या भाग्याचो बडवाचार न्हय
प्रत्यक्षांत तूं पळेशीत तेन्ना म्हजे म्हणणेचो येतलो प्रत्यय

||३५||

रुद्धापाङ्गप्रसरमलकैरञ्जनस्नेहशून्यं
प्रत्योदेशादपि च मधुनो विस्मृतभ्रूविलासम् ।
त्वय्यासन्ने नयनमुपरिस्पन्दि शङ्के मृगाक्ष्या
मीनक्षोभाच्चलकुवलयश्रीतुलामेष्यतीति ॥

काजळ विरयत्या रित्या दोळ्यांची नदर आडायती सुक्यो बटा
मधुपानाचो सराव थांबिल्ल्यान भोंवयो विसरतात चंचलता
तूं पावलो जर लागीं, सखीचो दावो दोळो लागतलो उडूंक
जळांत पेंवपी नुस्त्याक लागून निळकमळां जशीं लागता धोलूंक

||३६||

वामश्चास्याः कररुहपदैर्मुच्यमानो मदीयै -
र्मुक्ताजालं चिरपरिचितं त्याजितो दैवगत्या।
संभोगान्ते मम समुचितो हस्तसंवाहनानां
यास्यत्यूरुः सरसकदलीस्तम्भगौश्चलत्वम् ।।

दावे मांडयेर म्हज्या नाखटांच्या उरबाड्याची एकूय कुरू ना
दुर्देवान थंय कमर पोट्याचीं मोतयां आतां तिका स्पर्शिना
संभोगाचो शीण घालोवपाक म्हज्या हातांनी हांव जिका कुस्करी
गोरी हळडुवी केळ कशी ती तेन्ना जाताली भितरी कांपरी

||३७||

तस्मिन्काले जलद यदि सा लब्धनिद्रासुखा स्या -
दन्वास्यैनां स्तनितविमुखो याममात्रं सहस्व।
मा भूदस्याः प्रणयिनि मयि स्वप्नलब्धे कथंचि -
त्सद्यःकण्ठच्युतभुजलताग्रन्थि गाढोपगूढम् ||

मेघा, सखी म्हजी दिसली तुका जर सुखाचे न्हिदेंत तेन्ना सुसतेता
वाट पळे तूं पार भराक थंय थांबोवन मातशीं तुजीं गर्जितां
मीलन सुख ती भोगता आसतली सपनांतूच भेट घेवन म्हगेली
सपन तिगेलें भंगोवन नाका सैल सुटूंक दिवंक मिठी तिगेली

॥३८॥

तामुत्थाप्यस्वजलकणिकाशीतलेनानिलेन
प्रत्याश्वस्तां सममभिनवैर्जालकैर्मालतीनाम् ।
विद्युद्गर्भः स्तिमितनयनां त्वत्सनाथे गवाक्षे
वक्तुं धीरः स्तनितवचनैर्मानिनीं प्रक्रमेथाः ॥

थंड ह्वेंत भरसावन पावसाची रिमझीम, जागय सखीक मेघा
मालतीच्या कळयांनीं फुलचें तशी प्रफुल्लीत म्हजी जातली प्रिया गा
तटास जावन ती तुका पळेतली उबो जनेलांत वीज घेवन आंगार
तेन्ना तुगेले, समजावणेचे धीर गंभीरशे येवचे उदगार

||३९||

भर्तुर्मित्रं प्रियमविधवे विद्धि मामम्बुवाहं
तत्संदेशैर्हृदयनिहितैरागतं त्वत्समीपम्।
यो वृन्दानि त्वरयति पथि श्राम्यतां प्रोषितानां
मन्द्रस्निग्धैर्ध्वनिभिरबलावेणिमोक्षोत्सुकानि ॥

म्हाका वळखली? मेघ हांव गे तो, इश्ट तुगेल्या घरकाराचो
कळोवंक आयलां कुशल तागेलें दिवंक ताचो संदेश मोगाचो
प्रवासी घरकार इत्सूक सोडूंक आपल्या व्हंकलांचे केंस मेकळे
पावलां तांचीं घरां वळोवंचीं म्हणून म्हगेले प्रयत्न सगळे

||४०||

इत्याख्याते पवनतनयं मैथिलीवोन्मुखी सा
त्वामुत्कण्ठोच्छ्वसितहृदया वीक्ष्य संभाव्य चैवम्।
श्रोष्यत्यस्मात्परमवहिता सौम्य सीमन्तिनीनां
कान्तोदन्तः सुहृदुपनतः सङ्गमात्किंचिदूनः ॥

आशादशेन आनी उत्फरक्यांनीं सीतेन मारुतीक जशें पळोवंचें
तशी सखी म्हजी तुका पळेतली, भाव नुरेचेर येवकाराचे
प्राण आपणाले कानांत हाडून आयकतली ती तुजें उलोवणें
प्रियाळाचें आयकूचें कुशल हें, ताचे भेटे परस केन्ना न्हय उणें

||४१||

तामायुष्मन्मम च वचनादात्मनश्चोपकर्तुं
ब्रूयादेवं तव सहचरो रामगिर्याश्रमस्थः।
अव्यापन्नः कुशलमबले पृच्छति त्वां वियुक्तः
पूर्वाभाष्यं सुलभविपदां प्राणिनामेतदेव ॥

म्हजे खातीर तूं इतलें काम कर चिरंजिवी उपकारी इश्टा
म्हजे सखीक सांग, घोव तिगेलो रामगिरीचेर दीस धुकलता
आनी तिगेली खबर विचारता, हुस्को करता तिच्या कुशलाचो
वियोग काळांत अबलार्धांगीक दुसरो कसलो प्रस्न विचारचो

||४२||

अङ्गेनाङ्गं प्रतनु तनुना गाढतप्तेन तप्तं
सास्त्रेणाश्रुद्रुतमविरतोत्कण्ठमुत्कण्ठितेन।
उष्णोच्छ्वासं समधिकतरोच्छ्वासिना दूरवर्ती
सङ्कल्पैस्तैर्विशति विधिना वैरिणा रुद्धमार्गः ||

वैरी विधातो मार्ग आडायता म्हणून धनी तुजो असो पयसावता
सहवासाची कल्पना करून वेगान तुका तो वेंगेंत घेता
त्या त्या अवयवांक अवयव भिडटात, तापल्या कुडींचें मीलन घडटा
हुनशे स्वास तो सोडीत रावता वेदनेन दोळयांत उदक पाझरता

॥४३॥

शब्दाख्येयं यदपि किल ते यः सखिनां पुरस्ता -
त्कर्णे लोलः कथयितुमभूदाननस्पर्शलोभात् ।
सोऽतिक्रान्तः श्रवणविषयं लोचनाभ्यामदृष्ट -
स्त्वामुत्कण्ठाविरचितपदं मन्मुखेनेदमाह ॥

पोल्याक तेंकचे ओंठ म्हणून जो उकती गजालूय कानांत सांगतालो
रसीक सजण तो ह्या समयाचेर श्रवण दर्शना पेल्यान पावलो
देखून आपलें, दुख मनांतलें म्हजे वरवीं तो तुका कळयता
म्हजेकडे संदेश दिवचो म्हूण उत्फर्क्यांचीं उतरां जुळयता

||४४||

श्यामास्वङ्गं चकितहरिणीप्रेक्षणे दृष्टिपातं
वक्त्रच्छायां शशिनि शिखिनां बर्हभारेषु केशान्।
उत्पश्यामि प्रतनुषु नदीवीचिषु भ्रूविलासान्
हन्तैकस्मिन्क्वचिदपि न ते चण्डि सादृश्यमस्ति ॥

वेलींत वसता कूड तुजी आनी कटाक्ष भितऱ्या हरणा दोळ्यांत
कांत चंद्रिम्यांत तुजे नुरेची, केसांची सर मोर पिसाऱ्यांत
भोंवयो पळेल्यार जिस्तूच दिसता कोंगरीं ल्हारां न्हंयेर आयल्यांत
सगळ्या रुपांक सारकाय गावली, रागरूपी मात तुळेक रावल्या

||४५||

त्वामालिख्य प्रणयकुपितां धातुरागैः शिलाया -
मात्मानं ते चरणपतितं यावदिच्छामि कर्तुम्।
अस्त्रैस्तावन्मुहुरुपचितैर्दृष्टिरालुप्यते मे
क्रूरस्तस्मिन्नपि न सहते सङ्गतं नौ कृतान्तः ||

हांगाचे शिळेचेर कावेच्या रंगान रागार फुगारशी तुका पितारतां
तुज्या पायां म्हऱ्यान दास कसो हांव म्हाका चितारूक सोदतां
इतल्यान दोळ्यांत दुकां दाटिल्ल्यान नदर म्हगेली धुंवराळ जाता
चित्रांत लेगीत मीलन आमगेलें निश्ठूर दैवाक सोंसना जाता

॥४६॥

मामाकाशप्रणीहितभुजं निर्दयाश्लेषहेतो -
र्लब्धायास्ते कथमपि मया स्वप्नसंदर्शनेषु।
पश्यन्तीनां न खलु बहुशो न स्थलीदेवतानां
मुक्तास्थूलास्तरुकिसलयेष्वश्रुलेशाः पतन्ति ॥

व्हडा सौभाग्यान केन्ना तरी तूं सपनांत म्हाका दिश्टी पडटा
घट्ट वेंगावपाक तुका तेन्ना हांव हात म्हगेले मुखार काडटां
काकुळतेणी पळोवन दशा म्हजी थळच्यो देवता कश्टी जातात
दुकां गळयतात रुखांपानांचेर दिसता मोतयांच्यो सरी शिंवरायतात

॥४७॥

भित्त्वा सद्यः किसलयपुटान्देवदारुद्रुमाणां
ये तत्क्षीरस्रुतिसुरभयो दक्षिणेन प्रवृत्ताः।
आलिङ्ग्यन्ते गुणवति मया ते तुषाराद्रिवाताः
पूर्वं स्पृष्टं यदि किल भवेदङ्गमेभिस्तवेति ॥

देवदारांचीं कंवळीं चंवरां फुलोवन ल्हवपीक पोकळी तांची
येतात वारे दक्षिणेंत सावन माखून सुगंधाय रुखा दिखाची
फवार ओल्यो शितळ झुळको येतल्यो तांकां वेंगांत घेतलो
कारण तांगेलो स्पर्श हाचे आदीं तुका गुणवती जाल्लो आसतलो

||४८||

संक्षिप्येत क्षण इव कथं दीर्घयामा त्रियामा
सर्वावस्थास्वहरपि कथं मन्दमन्दातपं स्यात्।
इत्थं चेतश्चटुलनयने दुर्लभप्रार्थनं मे
गाढोष्माभिः कृतमशरणं त्वद्वियोगव्यथाभिः ||

लांबचे लांब हे तीन पार रातीचे, पळा सारके केन्ना पळटले?
उज्या वरी हे गात्रां लासपी विरहाचे दीस केन्ना सरतले?
दुर्लभ ताची वाट पळेतना रातदीस मन झुरतच उरलां
प्रिये चंचले, निराधार हांव उतळताप हे सोंशीत रावलां

||४९||

नन्वात्मानं बहु विगणयन्नात्मनैवावलम्बे
तत्कल्याणि त्वमपि नितरां मा गमः कातरत्वम्।
कस्यात्यन्तं सुखमुपनतं दुःखमेकान्ततो
वा नीचैर्गच्छत्युपरि च दशा चक्रनेमिक्रमेण ॥

सदांच हुस्के काडटा खरो पुण मागीर मनाक ह्या धीर हांव दितां
दुख नाका दाटोवंक काळजांत नीट मतींत धर तुकाय बी सांगतां
सांग कोणाकूच केन्ना मेळ्ळां सगलें सुख वा दुख पुरायेन
चक्र जिणेचें वयर सकयल हें सदांच जाता आळये पाळयेन

॥५०॥

शापान्तो मे भुजगशयनादुत्थिते शाङ्‌र्गपाणौ
शेषान्मासान् गमय चतुरो लोचने मीलयित्वा।
पश्चादावां विरहगुणितं तं तमात्माभिलाषं
निर्वेक्ष्यावः परिणतशरच्चन्द्रिकासु क्षपासु ॥

भुजंगशैया सोडून श्रीहरी चातुर्मासांताक जेन्ना उठ्ठलो
मेटल्या दोळ्यां दीस कशेय धुकल तूं, तितले म्हणसर स्राप सरतलो
विरह काळांतल्या मनोरथांची मागीर करूंया पुराय पूर्ती
शरदाच्या चान्र्यांत भोगूंया भोगाच्यो लखलखीत राती

||५१||

भूयश्चाह त्वपमि शयने कण्ठलग्ना पुरा मे
निद्रां गत्वा किमपि रुदति सस्वनं विप्रबुद्धा।
सान्तर्हासं कथितमसकृत्पृच्छतश्च त्वया मे
दृष्टः स्वप्ने कितव रमयन्कामपि त्वं मयेति ॥

याद आसा गे तुका तेन्नाची, म्हज्या गळयांत हात घालून न्हिदिल्ली
अकस्मात तूं जाल्ली जागी, सखे, तेन्ना तूं रडत आशिल्ली
खोदून खोदून कारण विचारल्यार जाप दितनां तूं भोवच लजिल्ली
"आरे सभाग्या, सपनांत हांवें तुजे वेंगेंत कोण कामिनी देखिल्ली"

||५२||

एतस्मान्मां कुशलिनमभिज्ञानदानाद्विदित्वा
मा कौलीनाच्चकितनयने मय्यविश्वासिनी भूः।
स्नेहानाहुः किमपि विरहे ध्वंसिनस्ते त्वभोगा -
दिष्टे वस्तुन्युपचितरसाः प्रेमराशीभवन्ति ॥

वळखून ही खूण आमचे भितल्ली, जाणून घे तूं कुशल म्हगेलें
न्हय त्यो गजाली कानार आयल्यार काडून उडय तूं दुबाव मनांतले
विरहान लागता मोगाक देंवती अशें कोणेय जरी म्हणलें, लटीक तें
दोगांय भितल्लें इल्लें पयसपण आपशींच मोगाक हाडटा भरतें

WORLD KONKANI LIBARY
Accn No: 004459

||५३||

आश्वास्यैवं प्रथमविरहोदग्रशोकां सखीं ते
शैलादाशु त्रिनयन वृषोत्खातकूटान्निवृत्तः।
साभिज्ञानप्रहितकुशलैस्तद्वचोभिर्ममापि
प्रातः कुन्दप्रसवशिथिलं जीवितं धारयेथाः ||

पयल्याच विरहान आकूळ सखी म्हजी निरोप धिराचो पावय तिका
वेगीं परत यो, दोंगरार मेळटलो शिंगांनी खेळपी नंदी तुका
संकेताच्या कुरवांक वळखून कुशल प्रियेचें जेन्ना कळटलें
फांत्यापाराचेर कुंदां फुलांवरी नवें संजीवन म्हाका मेळटलें

||५४||

कच्चित् सौम्य व्यवसितमिदं बन्धुकृत्यं त्वया
मे प्रत्यादेशान्न खलु भवतो धीरतां कल्पयामि।
निःशब्दोऽपि प्रदिशसि जलं याचितश्चातकेभ्यः
प्रत्युक्तं हि प्रणयिषु सतामीप्सितार्थक्रियैव ॥

स्मरून नातें इश्टागतीचें घेशीत तूं हो वावर भावकेचो?
जाप ना तरी, अव्हेर तुगेलो दिसना म्हाका म्हजे मागणेचो
आर्त चातकाक असोच सुखायशी नुलयत घालून सरी वर्षाच्यो
प्रियजन आपले तृप्त करपाचे अशोच आसतात कृती सज्जनांच्यो

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY * MANGALORE *
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

॥५५॥

एतत्कृत्वा प्रियमनुचितप्रार्थनावर्तिनो मे
सौहर्दाद्वा विधुर इति वा मय्यनुक्रोशबुद्धया।
इष्टान् देशाञ्जलद विचर प्रावृषा संभृतश्री -
र्मा भूदेवं क्षणमपि च ते विद्युता विप्रयोगः ॥

तुजेकडेन ही मागणी करची उचीत जावचेंना म्हाका कळटा
करुणेन भरला तूं मोगाळा, खातरेन म्हगेली इत्सा भागयता
जळभारान तूं असो बागवला तुवें फावोशा मार्गान वचचो
म्हजेवरी तुका खिणाभराचोय विरह जावचो न्हय सखी विजेचो

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY

H459
Divo->Dev
SHA

D



अणकारपी

शांताराम वर्दे वालावलीकार

जल्म : १७ डिसेंबर १९३९, दिवचल - गोंय.

पुस्तिका : शणै गोंयबाब जिवीत आनी वावर

संपादन : वज्रलिखणी

शणै गोंयबाबांचें समग्र साहित्य

खंड १ ते ४